१२-१२-२०२५

सकाळी - ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या १५ तारखेसावन जॉर्डन, इथिओपिया आनी ओमानच्या चार दिसांच्या भोवंडेर वतले.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज मणिपूरची राजधानी इम्फाळात नु पी. लाल स्मारक संकुलाक भेट दितल्यो.

बालाघाट जिल्हयात दोन नक्षलवाद्यांच्या आत्मसमर्पणा उपरांत मध्य प्रदेशचे मुखेलमंत्री मोहन यादव हांणी राज्य नक्षलमुक्त म्हूण केले घोषित.

केरळाचो 30वो आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव आयजसवन सुरू.

भारत आनी दक्षिण आफ्रिका पंगडामदी टी-२० क्रिकेट खेळामाळेत काल चंदीगडात जाल्ल्या दुसऱ्या खेळात दक्षिण आफ्रिकेन भारताक ५१ धावंड्यांनी हारयले.

प्रधानमंत्री - १७०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या १५ तारखेसावन जॉर्डन, इथिओपिया आनी ओमानच्या चार दिसांच्या भोवंडेर वतले. ह्या दौऱ्याच्या पयल्या पावंड्यात, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी जॉर्डनचे द्वितीय राजा अब्दुल्लाह बिन अल हुसेन हांच्या आपोवणेवेल्यान जॉर्डनाक भेट दितले. ह्या दौऱ्यावेळार, दोनू6य फुडारी द्विपक्षीय संबंधांच्या सगळ्या मुद्द्यांचो नियाळ घेतले आनी प्रादेशिक मुद्द्यांचेर चर्चा करतले. दोनूंय देशांमदले राजनितिक संबंधांच्या ७५ व्या वर्धापन दिसानिमतान, परस्पर संबंध आनीक घटमूट करपाखातीर आनी सहकार्याच्या नव्या क्षेत्रांचो सोध घेवपाखातीर ही भेट म्हत्वाची मानतात. १६ डिसेंबराक प्रधानमंत्री मोदी इथिओपियात वतले. ही तांची इथिओपियाची पयलीच भेट आसा. हेवेळार ते इथिओपियाचे प्रधानमंत्री डॉ. अबी अहमद अली हांच्या आपोवणेवेल्यान वतात. ह्या दौऱ्यावेळार, प्रधानमंत्री मोदी इथिओपियाच्या प्रधानमंत्र्यांकडेन द्विपक्षीय संबंधांविशी खोलायन चर्चा करतले. दौऱ्याच्या निमण्या पावंड्यात, १७ डिसेंबराक, प्रधानमंत्री  मोदी ओमानचे सुलतान हैथम बिन तारिक हांच्या आपोवणेवेल्यान ओमानाक भेट दितले. प्रधानमंत्री मोदींचो हो ओमानचो दुसरो दौरो आसतलो. दोनूंय देशांमदले राजनितिक संबंधांक ७० वर्सां पूराय जातात. ह्या भेटीक लागून दोनूंय वटेन वेपार, गुंतवणूक, ऊर्जा, संरक्षण, सुरक्षा, तंत्रगिज्ञान, शेती आनी संस्कृती ह्या क्षेत्रातल्या भागीदारीचो नियाळ घेवपाची तशेच परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतिक मुद्द्यांचेर चर्चा करपाची संद मेळतली.

राष्ट्रपती - १००

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज मणिपूरची राजधानी इम्फाळात नु पी. लाल स्मारक संकुलाक भेट दितल्यो. त्यो राज्यातल्या शूर बायलांक आर्गां ओपतल्यो. राष्ट्रपती मणिपूरच्या सेनापती जिल्हयात एका जाहीर सभेत उलोवप करतल्यो आनी जिल्हयातल्या उदरगत प्रकल्पांचे उक्तावण आनी बुनियादी फातर बसयतले.

राष्ट्रपती मुर्मू काल मणिपूरच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार काल इम्फाळात पावल्यो. काल, तांणी इम्फाळात १,३८७ कोटी रुपया मोलाच्या प्रकल्पांचे उक्तावण आनी बुनियाद घाली. हे प्रकल्प भलायकी, शिक्षण, आदिवासी उदरगत, रस्ते, शेती, वीज आनी पिवपाच्या उदकाविशी संबंधित आसात.

हया प्रकल्पांक लागून रोजगार वाडटलो आनी मुळाव्या सुविधांमदी सुधारणा जातली अशें राष्ट्रपतींनी सांगले. केंद्र सरकार मणिपूरच्या सर्वांगीण उदरगतीखातीर कटीबद्ध आसा अशेंय तांणी सांगले. मणिपूरच्या लोकांचे कल्याण हे सरकारचे सर्वोच्च प्राधान्य अशेंय राश्ट्रपतीनी म्हळे.

यूनेस्को 165

राज्यसभेन आज युनेस्कोच्या अमूर्त सांस्कृतिक दायज वळेरेत दिवाळीच्या शिलालेखाचे कौतुक केले. राज्यसभेचे अध्यक्ष आनी उपराष्ट्रपती सीपी

राधाकृष्णन हाणी म्हणाले की, हो देशा खातीर प्रचंड राष्ट्रीय अभिमानाचो खीण.हो फक्त एक उत्सव न्हय, तर तो काळखाचेर उजवाडाचो आणि अज्ञानार ज्ञानाच्या विजयाचे प्रतीक आसा.  दिवाळी हो भारतातलो सोळावोवो शिलालेख उत्सव आसा. त्यांनी आशा व्यक्त केली की ही कामगिरी लोकांक देशाच्या समृद्ध दायज आणि परंपरांचे जतन, प्रचार आणि अभिमानाने नूतनीकरण वचनबद्धतेन मनोवपाक प्रेरित करतले

एनडीए जेवणाचे आयोजन -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल राती तांच्या राबीतो घरा राष्ट्रीय लोकशाय आघाडी (एनडीए) च्या खासदारांखातीर खासा रातच्या जेवणाचे आयोजन केल्ले. एनडीए युती नव्या राष्ट्राच्या उदरगतीखातीर, सुशासनाखातीर आनी प्रादेशिक आकांक्षांखातीर एकठाय आसात अशें सोशल मीडिया पोस्टात प्रधानमंत्र्यांनी म्हळे. एनडीए युती देशाच्या उदरगतीखातीर एकवटीतपणान काम करत रावतले अशेंय तांणी हेवेळार म्हळे.

भारत- लायबेरिया

भारत आनी दक्षिण आफ्रिकेन देश लायबेरियान वखदांची गुणवत्ता राखपाखातीर समजीकायेच्या कबलातींचेर सय केल्या. ह्या कबलातींचेर भारताचे लायबेरियातले राजदूत मनोज बिहारी वर्मा आनी लायबेरियाचे भलायकी मंत्री डॉ. लुई एम. कपोटो हांणी सय केली अशें भलायकी मंत्रालयान सांगले. ह्या कबलातीक लागून

सुरक्षित आनी परवडपी अशा  वखदांची उपलब्धता वाडटली अशें मंत्रालयान म्हळा.

बालाघाट नक्षलवाद आत्मसमर्पण - ७०

बालाघाट जिल्ह्यात दोन नक्षलवाद्यांनी आत्मसमर्पण केल्याउपरांत मध्य प्रदेशचे मुखेलमंत्री मोहन यादव हांणी राज्य नक्षलमुक्त म्हूण घोषित केले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला आनी घरमंत्री अमित शहा हांच्या मार्गदर्शनाखाली २०२६ मेरेन नक्षलवाद सोपोवपाच्या संकल्पाकलागून हे शक्य जाले, अशें तांणी हेवेळार सांगले.

नक्षलवादी दीपक आनी रोहित हांणी काल बालाघाट जिल्ह्यात आत्मसमर्पण केले. बालाघाट  जिल्ह्यात आता कसलोच नक्षलवाद सक्रिय ना अशें बालाघाटचे पुलिस अधीक्षक आदित्य मिश्रा हांणी म्हळे.

गडकरी   80

पेट्रोलात २० टक्के इथेनॉल मिश्रण वापरिल्यान भारतातले कार्बन डायऑक्साइड उत्सर्जन ७३६ लाख मेट्रिक टनांनी उणे जाला, अशे केंद्रीय रस्ते, येरादारी आनी महामार्ग मंत्री नितीन गडकरीनी म्हणला.  काल लोकसभेत प्रश्नोत्तराच्या वराक पुरवणी प्रश्नांना जाप दितना गडकरी उलयताले.  इथेनॉल हे एक हरित इंधन आसा आणि ताका लागुन प्रदूषण उणे जाता आनी  शेतकारांचे उत्पन्न वाढपाक मजत जाता अशे ताणी म्हळे Byte

प्रल्हाद 50

हरित ऊर्जेक उर्बा दिवपाक पाचव्या  हायड्रोजनाचेर चलपी गाडयेतल्यान केंद्रीय मंत्री प्रल्हाद जोशी संसदेत पावले. उपरांत माध्यमाकडे उलयताना त्यांनी सांगले की प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्यांच्या  पुडारपणाखाला हरित हायड्रोजन खातीर चळवळ सुरू केल्या अशे खबराकारांकडेन उलयताना ताणी सांगले. Byte

पियुष गोयल - ८०

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पियुष गोयल हांणी काल मुंबयत इटलीचे उपप्रधानमंत्री आनी विदेश वेव्हार आनी आंतरराष्ट्रीय सहकार मंत्री अँटोनियो ताजानी हांची भेट घेतली. दोनूंय देशांमदी धोरणात्मक भागीदारीच्या गतीचेर आधारित, वेपार वाडोवप, पुरवण साखळी घटमूट करप, तंत्रगिज्ञान सहकार्याक ऊर्बा दिवप आनी नितळ गतिशीलता, हरित ऊर्जा, प्रगत उत्पादन आनी अन्न प्रक्रिया ह्या क्षेत्रात सहकार्य वाडोवप हाचेर चर्चा जाली. भारत आनी इटलीमदले आर्थिक सहकार्य वाडोवपाखातीर ही बसका  एक म्हत्वाचो पावंडो थारली. वरिष्ठ सरकारी फुडारी, उद्देग संघटना, युनिकॉर्न संस्थापक आनी १५० परस चड भारतीय आनी इटालियन कंपन्यांक हेवेळार एकठाय हाडले.

Kerala Film –50

केरळाचो 30वो आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव आयज सावन तिरुवनंतपुरमांत सुरू जाता. टोकियो आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवांत उत्कृश्ट चित्रपट पुरस्कार

फावो जाल्लो एनीमारी जॅसिराचो पॅलेस्टायन 36 हो उक्तावणाचो चित्रपट आसतलो. हो महोत्सव 19 डिसेंबर मेरेन चलतलो. ह्या चित्रपट महोत्सवांत मॉरिटानियाचो चित्रपट निर्मातो आनी आफ्रिकन सिनेमांतले नामनेचे कलाकार अब्देर्रहमान सिसाको हांका लायफटायम अचीवमेंट पुरस्कार दिवन भोवमानीत करतले.

IMD – 60

भारतीय हवामान खात्यान आयज छत्तीसगढ, महाराष्ट्र, उत्तर अंतर्गत कर्नाटक, ओडिशा, तेलंगणा आनी अस्तंत मध्य प्रदेशात थंडीची ल्हार येवपाचो अदमास उक्तायला. उत्तर प्रदेश हरियाणा, पंजाब, चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेशांत काय सुवातींनी दाट धुक्याची परिस्थिती हवामान खात्यान उक्तायल्या. त्याच वेळार अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर वीज आनी वादळी वारें वांगडा गडगड मारपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां. मजगतीं, दिल्ली-एनसीआरांतल्या हवेचो दर्जो अजुनूय सामकोच वायट श्रेणीत आसा.

क्रिकेट - ५०

भारत आनी दक्षिण आफ्रिका पंगडामदी चलतल्या पाच खेळांच्या टी-२० क्रिकेट माळेत काल चंदीगडात जाल्ल्या दुसऱ्या खेळात दक्षिण आफ्रिकेन भारताक ५१ धावंड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना दक्षिण आफ्रिकेन २१३ धावंड्यो

केल्यो. दक्षिण आफ्रिकेच्या क्विंटन डी कॉक हांणे बेसबरो खेळ करताना ९० धावंड्यो केल्यो. उपरांत भारतचो डाव १६२ धावंड्यातूच सोपलो. दोनूंय पंगडामदली ही खेळामाळ आता १-१ अशी बादाबाद आसा.